Akashwani Panaji Regional news 7.25 am 10 march 2025

11 आनी 12 मार्चाक मॉरिशसांतल्या दोन दिसांच्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या मॉरिशस समकक्षा वांगडा वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. ह्या प्रकल्पांत नागरी सेवा म्हाविद्यालय आनी क्षेत्र भलायकी केंद्र हांचो आस्पाव जाता. हे प्रकल्प भारताच्या आदारान बांदिल्ले आसा . आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना मॉरिशसांतले भारताचे उच्चायुक्त अनुराग श्रीवास्तव हांणी सांगलें की भारत आनी मॉरिशस हांचे मदीं घटमूट, गतीशील आनी द्विपक्षीय संबंद आसात आनी प्रधानमंत्री मोदी हांची भेट दोनूय देशां मदल्या नात्यांक परतून पुष्टी करतली आनी हो संबंद नव्या उंचायेर व्हरपाक मदत जातली.

---

मुरगांव मतदार संघातल्या बायणा दर्या वेळेर पयलेच फावट घडोवन हाडिल्ल्या आध्यात्मिक म्होत्सवाक आयज सांजवेळा कांय खिणा पयली सुरवात जाली.कुंडय तपोभूमीचे ब्रम्हेशानंदाचार्य आनी स्वामी आयज सांजवेळा वास्को शारांत पावले तेन्ना पंचायत मंत्री माविन गुदीनो आनी वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हाणी तांका देवकार दिलो. वास्कोचे ग्रामदैवत दामोदर देवाचें दर्शन घेवपाक पावले तेन्ना शेकडयांनी हाजीर आशिल्ल्या बायलांनी तांची ओवाळणी केली. उपरान्त मिरवणूकेन सगळे स्वामी बायणा दर्या वेळेकडे वचपाक भायर सल्ले. बायणा वेळेर मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें तांका येवकार दिलो. सुमार धायेक हजार भक्त गणांची ह्या म्होत्सवाक उपस्थिती आसा.

---

आमदार संकल्प आमोणकार हाणें काल सकाळी मुरगांव मतदार संघान वैजकी शिबिर घडोवन हाडिल्लें. मुखेल सोयरे म्हुण मंत्री राणे हाजी रावपाचे आसले पुण अचकीत काम आपिल्ल्यान ते हाजीर रावपाक शकले ना. मोबायला वरवी शिबीराचें उक्तावण करून हाजीर आशिल्ल्यां मुखार उलयताना मंत्री राणें हाणें म्हळा, की उदरगतीच्या मळार मुरगांव खुप फाटी आसा. मुरगांवच्या उदरगती खातीर आमदार आमोणकर करता ती तोखणाय करपा सारखी आसा. ताची मागणी विचारान घेवन सरकारान मुरगावान २० खाटीचें हॉस्पिटल तशेंच डायलीसीस सेंटर उबरपाक

सरकारान मान्यताय दिल्ल्याचें जाहीर केला. आमदार संकल्प आमोणकार तशेंच गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकर हांचीय ह्यावेळार उलोपा जाली. सुमार ६०० जाणांनी ह्या शिबिराचो लाव घेतलो.

---

चवथ, दिवाळी, होळी ह्यो परबो गोंयच्या सगळ्या परबां मदले एक. होळी आयतारा, १४ मार्चाक जरी आसली तरी बारा म्हालांनी विवीध सुवातांचेर शिमग्याक ८ मार्च सावन सुरवात जाल्या. काल सावयवेऱ्यां मांडावेले देवतेक गाराणें घालून आनी नमन करून परंपरीक शिगम्याक सुरुवात जाली. साळांतले गडे, ठाणेंची घोडेमोडणी, झर्म्याचो चोरोत्सव, मळकर्णेचो शेणी ऊजो, सांगेचो वीरभद्र हे गोंयच्या शिगम्याचे फामाद उत्सव. गडे, घोडेमोडणी आनी चोरोत्सव येवपी कांय दिसांनी सुरू जातले. पिळगांवचे गडे ११ मार्च, जाल्यार साळ गडे १५, १६ आनी १७ तारखेर जातले.दर वर्सा प्रमाण अंदूय पर्यटन खात्यान शिगमोत्सवाच्यो तारखो जाहीर केल्यात. अंदू गोंयांत १५ मार्च सावन शिगमोत्सवाक सुरवात जातली. पणजे सयत सगळ्या शारांनी चित्ररथ मिरवणुको जातल्यो.

---

गोंय सरकाराचें राजभास संचालनालय आनी गोंय कोंकणी अकादेमीन फाल्या 'कविता उत्सव ' कार्यावळ आयोजित केल्या. ज्ञानपीठकार रविंद्र केळेकार आनी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जल्मशती वर्सा निमतानची ही खाशेली कार्यावळ केरी-सत्तरीच्या विवेकानंद ज्ञानमंदीर हायस्कुल सभाघरांत जातली. कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हूण ठाणे सरकारी माध्यमिक शाळेचे प्राचार्य काशीनाथ नायक हाजीर आसतले. कोंकणी अकादेमीचे प्रभारी अध्यक्ष वसंत भगवंत सावंत, गोंय कोंकणी अकादेमीचे कार्यकारी वांगडी गोपीनाथ गावस, विवेकानंद शिक्षण संस्था अध्यक्ष नामदेव अर्जुन गावस मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. ह्या कविता महोत्सवांत शाळेचे विद्यार्थी डॉ. मनोहर राय सरदेसाय हांच्या कवितांचें सादरीकरण करतले. तशेंच कांय आमंत्रित कवी आपल्यो कविता सादर करतले. रवींद्र केळेकाराचें साहित्यीक योगदान तशेंच ताच्या जिविताचेर आदारिल्लें टेलीफिल्म लेगीत विद्यार्थ्यांक दाखयतले.

---

फेब्रुवारी च्या नीमणे सप्तकासावन गोयांत तापमान वाडत आसा.मार्च म्हयन्यांथले पयले धा दीस तापमानांत वाड चालूच आसा.८ तें १० मार्च ह्या दिसांनी गोयांतलें हवामान उश्णआनी दमट आसतलें,असो अदमास हवामान खात्यान परगटायला.ते प्रमाण ह्या तीन दिसां खातिर यलो एलर्ट जारी केला.हाकाच लागून मार्च म्हयन्याच्या पयल्या धा दिसा खातीर उश्णतायेचो यलो एलर्ट जारी केला.